# ‘विज्ञान मंथन’ लोगोचें अनावरण : शिक्षणांत अभिनव नवे मॉडेल

ता. 7 फेब्रुवारी 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आनी कामगार, महसूल आनी कोयर वेवस्थापन मंत्री श्री. आतानासिओ मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत ‘विज्ञान मंथन’ ह्या अभिनव शिक्षणीक उपक्रमाच्या लोगोचें अनावरण जालें.

ह्या वेळार मुख्याध्यापक श्री. विशाल गजानन सिग्नापूरकर आनी तांच्या टीमीची उपस्थिती आशिल्ली. शाळा, कुटुंब आनी समाज हांकां एकत्र जोडून वैज्ञानिक दृश्टीकोन आनी कुतूहल वाडोवप हें ‘विज्ञान मंथन’ ह्या नव्या शिक्षण मॉडेलाचें मुखेल उद्दिश्ट आसा.

‘विज्ञान मंथन’ हो भारतीय ज्ञानपरंपरेकडेन (Indian Knowledge System – IKS) जोडिल्लो, प्रत्यक्ष अणवाचेर आदारित विज्ञान शिक्षणाचो सर्वसमावेशक जनजागृती उपक्रम आसा. शाळा, कुटुंब आनी समाज ह्या तीन पावंड्यार उपक्रम राबोवपाक, तो विज्ञान सेतू, विज्ञान खिडकी आनी विज्ञान महोत्सव ह्या तीन स्तंभांनी उभारिल्लो आसा. हो उपक्रम सरकारी माध्यमिक विद्यालय, मेरशी आनी सरकारी माध्यमिक विद्यालय, किर्लावाडा –चिंबल, तिसवाडी, गोंय ह्या स्कुलांचे मुख्याध्यापक श्री. विशाल गजानन सिग्नापूरकर आनी तांच्या सहकारी शिक्षकांनी तयार करून अमंलबजावणी केल्या.

संशोधन, प्रयोगशीलता आनी भारतीय ज्ञानपरंपरेचो आदार घेत, हो उपक्रम विज्ञान शिक्षणाक वर्ग कुडीच्या भायर घेवन वता. ‘विज्ञान सेतू – बालमनांक जोडपी पुल’ हो पयलो स्तंभ आसा आनी तो तिसवाडी तालुक्यातल्या सगळ्या सरकारी प्राथमिक शाळा आनी ‘अपना घर’ संस्थांनी राबयतात. विज्ञान गीत, विज्ञान कोडी, विज्ञान चर्चा, विज्ञान खेळ अशां उपक्रमां वरवीं प्रत्येक मुळाव्या शाळेंत विज्ञान क्लब स्थापन करून भारतीय शास्त्रज्ञांक मान दितात. ह्या उपक्रमान तिसवाडीन विज्ञान केंद्र स्थापनेची संकल्पना बळकट जाल्या. समर्पित सरकारी माध्यमिक शिक्षकांच्या फुडारपणा खाला हो उपक्रम हजारांनी विद्यार्थी आनी शिक्षकांची वैज्ञानिक जिज्ञासा, चिकित्सक विचार आनी सांस्कृतिक अभिमान वाडयता.

नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय शिक्षणीक नियोजन आनी प्रशासन संस्था (NIEPA) हांणी Successful School Leadership: Exemplars of Change and Innovation ह्या

अंतर्गत ह्या उपक्रमाक मान्यताय दिल्ल्या उपरांत, गोंय सरकारान GSCERT मार्फत हो उपक्रम राज्यभर स्वीकारिल्लो आसा.

विज्ञान खिडकी – कुटुंबावांगडा शिकपाचे क्षण’ हो दुसरो स्तंभ आसा आनी तो विज्ञान शिक्षण घराघरांत पावयता. पालक आनी विद्यार्थी हांच्या जोडपालवान हो उपक्रम राबयतात. विज्ञान रसोई (रांनचेकुडीतलें विज्ञान) आनी विज्ञान सहल (अणभव आदारीत भेटी) ह्या उपक्रमांच्या आदारान भारतीय ज्ञानपरंपरेकडेन जोडिल्लें, सर्वसमावेशक आनी कितल्याशाच पिळग्यांमदल्या शिक्षणाक प्रोत्साहित करता. ह्या उपक्रमाचो सगळ्यात म्हत्वाचो टप्पो म्हळ्यार वर्सुकीं ‘विज्ञान महोत्सव – सामाजीक यशाचो उत्सव’. ह्या विज्ञान महोत्सवांत विद्यार्थ्यांनी तयार केल्ले प्रकल्प प्रदर्शीत करतात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/107

--
----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.